**लोकसभा टप्पो-1 मतदान २००**

लोकसभेच्या पयल्या पांवड्याखातीर वैचणूकैचें आज मतदान जाता. पयल्या पांवड्याखातीर आज 17 राज्यां आनी 4 केंद्रशासीत प्रदेशांनी मेळून १०२ लोकसभा सुवातांखातीर मतदान जाता. १ हजार ६२५ उमेदवार वैचणूकेचे रिंगणांत आसात. अरुणाचल प्रदेश, मेघालय, मिझोराम, नागालॅन्ड, सिक्किम, अंदमान-निकोबार, लक्षद्वीप, पुड्डुचेरी, उत्तराखंड आनी तामिळनाडूंत पयल्या पांवड्यार मतदान जातलें. खेरीज राजस्थानांत १२. उत्तर प्रदेशांत ८, मध्यप्रदेशांत ६, आसाम आनी महाराष्ट्रांत १ सुवातो, बिहारांत ४. अस्तंत बंगालांत ३, मणिपूरांत दोन, छत्तीसगढ, त्रिपूरा आनी जम्मू आनी काश्मिरांत दरेकी एके लोकसभा सुवालेखातीर मतदान जातलें. वैचणूक आयोगान ह्या पांवड्यावेले वैचणूकेखातीर देशभरात साडेतिनशै वैचणूक निरीक्षकांची नेमणूक केल्या. मतदान मुक्त आनी निश्पक्ष जावचे म्हूण वेवस्थेचेर देखरेख दवरूंक वैचणूक आयोगान १२७ जनरल, ६७ पोलीस आनी १६७ खर्चाविशर्शी निरीक्षकांची नेमणूक केल्या. एकूण सात पांवड्यांनी लोकसभेची वैचणूक जातली. ४ जूनाक सातूय पांवड्यांची मेळून एकठांय मतमेजणी जातली. पयल्या पांवड्यार अरुणाचल प्रदेश आनी सिक्किम विधानसभांच्यो वेंचणूकोय जावपाच्यो आसात.

**चवथो पांवडो अधिसुचोवणी**

इतले मजगर्ती, लोकसभा वैचणुकेच्या चवथ्या पांवड्याखातीर अधिसुचोवणी वैचणूक आयोगान जल ज्यारी केली. ह्या पांवड्यार ९ राज्यां आनी केंद्रशासीत प्रदेशांनी मेळून ९६ लोकसभा सुवातांखातीर १३ मेक मतदान जातलें. उमेदवारी दाखल करपाक २५ एप्रिलमेरेन मुजत आसतली. इतले मजगतीं, तिसऱ्या पांवड्यावेले वैचणूकेखातीर उमेदवारी अर्ज घालपाची मुजत आज सोपता. ह्या पांवड्यार १० राज्यां आनी २ केंद्रशासीत प्रदेशांनी ९४ लोकसभा सुवातांखातीर ७ मेक मतदान जातलें. तातूंत गाँयच्या दोन सुवातांचोय आसपाव आसा.

**मैनिफेस्टो सीएम, श्रीपाद १८५**

नरेंद्र मोदी सरकार आपल्या तिसऱ्या कार्यकाळांत यूसीसी, म्हळ्यार समान नागरी संहिता आनी एक राष्ट्र एक वैचणूक चालीक लायतलो. मेरा युवा भारत उपक्रम हे आदींच चालीक लायला. मेरा युवा भारत येवजणेसकयल ११ हजार तरणाट्यांक कुशळटाय प्रशिक्षण दिलां. पर्यटनाक ऊर्जा दिवपी स्वदेश दर्शन येवजण चालीक लागतली, अशीय म्हायती मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणीं दिल्या. भाजपाच्या लोकसभा संकल्प पत्राविशीं मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत, प्रदेश अध्यक्ष, खासदार सदानंद शेट तानावडे आनी उत्तरेचे उमेदवार, खासदार-मंत्री श्रीपाद नायक आनी दक्षिणेच्यो उमेदवार पल्लवी धेंपे हांची पणजे भाजपा मुख्यालयांत पत्रकार परिशद जाली. मोदी सरकारान हे आदल्या कार्यकाळांत ९० ट्के जाहीरनामो चालीक लायला. हे खेपे १०० टक्के चालीक लायतले, ही मोदी की गॅरंटी, अशे खासदार श्रीपाद नायक हाणी सांगलें. धेंपो उद्देग समूह आनी धेंपो घराब्याचो गौयच्या वेगवेगळ्या मळांनी वावर आसा. तो मतींत धरुनूच पल्लवी धेंपो हांकां उमेदवारी दिल्या, अशीय जाप मुखेलमंत्र्यांनी खबराकारांच्या प्रस्नाक दिली. रमाकांत खलप हांचेबरोबर उक्ते चर्चेक आपूण तयार आसां, मात सध्या प्रचाराचे रणधुमाळींत भाजपाक हे गजालींक वेळ ना, अशी जाप मुखेलमंत्र्यांनी खलप हांच्या आव्हानाक दिली. कार्डिनल फिलिप नेरी फेरीव हाणीं धर्मनिरपेक्षतेक मतदान करपाचो उलो मारला. भाजपा होच सगल्या जाती-धर्माक बरोबर घेवन वचपी धर्मनिरपेक्ष पक्ष. कार्डीनल हाचे प्रमाण भाजपाच मतदानाक पात्र, अशी जाप मुखेलमंत्र्यांनी दिली.

**गोवा लोकसभा वैचणूक २१०**

तिसऱ्या पांवड्यार गाँयांत जावपा आशिल्ल्या लोकसभेच्या वैचणूकेखातीर अर्ज भरपाक आज निमाणो दीस. उमेदवारी अर्ज फार्टी घेवपाची मुजत सोपल्या उपरांत सौमारमेरेन उमेदवार निश्चित जातले. इतले मजगती, उमेदवारांच्या प्रचाराक नेट आयला. भाजपा आनी आरजी पक्षाचो दुसऱ्या पांवड्यावेलो प्रचार सोपत आयला. जाल्यार काँग्रेसौचो पयलो पांवड्यावेलो प्रचार चल्ला. भाजपान तिसऱ्या पांवड्यांत थळाव्या आनी राष्ट्रीय फुडाऱ्यांच्यो प्रचारसभा थारायल्यात.

४० स्टार प्रचारकांची वळेरी जाहीर केल्या. पक्षाच्या राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या फुडाऱ्यांच्या सभांची वळेरी थारावंक सुरवात केल्या. येता ते २४ तारखेर घरमंत्री अमित शहा गाँयांत प्रचारसभेखातीर येवपाचे आसात. खेरीज नितीन गडकरी, रक्षामंत्री राजनाथ सिंग हांच्योय सभा थारल्यात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची सभा मेच्या पयल्या सप्तकांत दक्षिण गोंयांत घेवपाचें थारता. प्रदेश अध्यक्ष, खासदार सदानंद शेट तानावडे हाणी खबराकारांक ही म्हायती दिली.

**आरजीपी उमेदवारी**

गोंयचो प्रादेशीक पक्ष, रॅव्हॉलूशनरी गोव्हन्स पक्ष, आरजीपीचे दोनूय उमेदवार मनोज परब आनी रुबर्ट पेरेर हाणी काल लोकसभेखातीर पक्षाची उमेदवारी दाखल केली. मनोज परब उत्तरेंतल्यान, जाल्यार रुबर्ट पेरेर दक्षिणेत आरजीपीचे उमेदवार आसात. उमेदवारी दाखल करतना पक्षाचे सांत आंद्रेचे आमदार विरेश बोरकार आनी वावूरपी आशिल्ले. पणझे आझाद मैदानाकडच्यान आरजीचे समर्थक जिल्लोधिकाऱ्याचे कचेरेमेरेन गेले. गाँय आनी गोंयकारांच्या प्रस्नांक संवसदेत वाचा फोडटले जाल्यार आरजी पक्षाचे खासदारूच तें काम करूंक शकतात. तेखातीर आरजी पक्ष लोकसभा वैचणूर्केत दैवला. भाजपा आनी कॉंग्रेसीक लोक बेजारल्यात. आरजी पक्षाकडच्यान लोकांक खूप अपेक्षा आसात. राष्ट्रीय पक्षाचे खासदार गोंयच्या प्रस्नांचेर गाँयाक न्याय मेळोवन दिवंक अपेशी थारल्यात, अशी टीका मनोज परब हाणीं केल्या.